# कला आनी संस्कृती खात्याची माटोळी आनी देखावो सजावट सर्त

ता. 6 ऑगस्ट 2024

कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन दर वर्सा चवथी निमतान आयोजीत करपात येवपी राज्य पांवड्यावयली माटोळी आनी देखावो सजावट सर्त जाहीर केल्या. वैयक्तिक कुटुंबांखातीर माटोळी सजावट सर्त 9 ते 12 सप्टेंबर मेरेन आयोजीत करपात येतली.

ह्या वर्सा माटोळी सजावट सर्तीखातीर पयले इनाम रू. 20,000/-, दुसरे इनाम रु. 15,000/-, तिसरे इनाम रु. 12,000/-, चौथ्ये इनाम रू. 10,000/-, आनी पाचवें इनाम रू. 8,000/- आसतले. तशेंच रु. 5,000/- ची पांच उमेद वाडोवपी इनामां दितले.

देखावो सादरीकरण सर्त फकत गोंय राज्यातल्या नोंदणी केल्ल्या भौशीक गणेश उत्सव मंडळांखातीर 13 ते 16 सप्टेंबर मेरेन आयोजीत करपात येतली.

देखावो सर्तीखातीर पयले इनाम रू. 35,000/- , दुसरे इनाम रू. 30,000/-, तिसरे इनाम रू. 25,000/-, चौथ्ये इनाम रू. 20,000/- आनी पाचवें इनाम रू. 15,000/- आसतले. तशेंच रू. 10,000/- ची पांच उमेद वाडोवपी इनामां दितले.

ह्या सर्तीचे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन पाटो, पणजी-गोंय, रविंद्र भवन – मडगांव, रविंद्र भवन – कुडचडे, रविंद्र भवन – साखळी, रविंद्र भवन – बायणा- वास्को आनी राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा 9 ऑगस्ट 2024 सावन उपलब्ध आसतले. तशेंच अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या www.artandculture.goagov.in ह्या संकेत थळाचेरय उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 30 ऑगस्ट 2024 मेरेन कार्यालयीन वेळेत स्वीकारले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/370

--

---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.